**<u>पर्रीकर हांका मरणोत्तर पद्मभूषण पुरस्कार फावो जाल्ल्याबद्दल राज्यपालाकडल्यान खोशी व्यक्त</u>**

ता. 26 जानेवारी 2020

देशाचे आदले संरक्षण मंत्री आनी गोंयचे आदले मुख्यमंत्री सर्गेस्त मनोहर पर्रीकर हांका मरणोत्तर पद्मभूषण पुरस्कार फावो जाल्ल्याबद्दल राज्यपाल श्री. सत्यपाल मलीक हांणी खोशी उकतायल्या. राज्यपाल म्हणटा, देश, समाज आनी खास करून गोंय राज्याखातीर केल्ल्या व्हड आनी असामान्य सेवेची दखल घेवन आमचे प्रिय आनी आदरणीय देशाचे आदले संरक्षण मंत्री आनी गोंयचे आदले मुख्यमंत्री सर्गेस्त मनोहर पर्रीकर हांका मरणोत्तर पद्मभूषण पुरस्कार (भौशीक वेव्हार) जाहीर जाल्ल्याचे आयकून म्हाक खुप खोशी जाता.

श्री मनोहर पर्रीकर हांणी निमण्या श्वसामेरेन अविश्राम गोंयच्या लोकांची सेवा केली. तांणी गोंय राज्य आनी गोंयकारांखातीर केल्ल्या मोलादीक योगदानाखातीर तांचो सदाच उगडास उरतलो.

ह्या महत्वाच्या दिसा हांव तांचे पुत श्री. उत्पल पर्रीकर आनी श्री. अभिजात पर्रीकर आनी सगळ्या पर्रीकर कुटुंबाक म्हजी शुभकामना आनी आशिर्वाद दिता. म्हान आत्मो आनी उतुंग राजकीय फुडारी श्री मनोहर पर्रीकर हांका फावो जाल्लो पद्मभूषण पुरस्कार हो संपूर्ण गोंयचो अभिमान जावन आसा, अशें राज्यपाल म्हणटा.

म्हा /सप/ जॉआ/ विगां/ 2020/79